**Akashwani panaji regional news 7.25 am 16th august 2026**

**CM – Independence108**

एक देश ,एक संविधान, विविध भाशा, विविध प्रांत, आनी ८० वर्साचे दायज आशिल्ला भारतान, संवसार भरानं आपली वेगळी अशी खाशेली वळख निर्माण केला. भारत देश आयज अर्थिक उदरगतीच्या बाबतीन मुखार आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी देशाच्या अयशाव्या स्वतंत्रताय दिसाच्या शासकीय कार्यावळीत उलयतना म्हणला

पणजे पोरणे -सचिवालया सामकार स्वतंत्रताय दिसाच्या कार्यावळीची सुरुवात वन्दे मातरम ह्य राश्ट्र गीताच्या उपरांत मुखेलमंत्र्याच्या हस्तुकी तिरंगा उबोवन जाली.ह्यावेळार गोंय पुलिशेन तिरंग्याक मानवंदना दिवपी संचालनाची मुखेलमंत्र्यानी पळोवणी केली. शासकीय सेवेत बरी कामगिरी केल्लया मानेस्तांचो भोवमान ह्या वेळार मुखेलमंत्र्यानी केलो. ह्या कार्यावळीक हेर मानेस्त, सरकारी अधिकारी आनी गोंयचे नागरीक हाजीर आशिल्ले. शासकीय कार्यावळी उपरांत शालेय विद्‍यार्थ्यांच्यो सासंकृतिक कार्यावळी जाल्यो.

Ganesh 156

जे गोयकारांकडेन घर वा फ्लॅट ना ताका घर वा फ्लॅट दिवपी मुखेलमंत्री आवास येवजण सरकार सूरू करतलो अशी घोषणा मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केली. राज्यात पणजे सयत सगळ्या शारानी स्वातंत्र्यताय दिसाच्यो कार्यावळी जाल्यो. मुखेल कार्यावळ पणजे पोरण्या सचिवालयामुखार जाली. हे कार्यावळीत उलयताना मुखेलमंत्र्यांनी ही घोषणा केली. कर्मचारी भरती आयोगा मार्फत आता मेरेन 3 हजार कर्मचाऱ्यांची भरती जाल्या. आनिक बेगीनूच 2 हजार कर्मचाऱ्यांची भरती जातली. गोंय मनीस उदरगत म्हामंडळावतीन आतामेरेन 5 हजार जाणाक नोकऱ्यो दिल्या. येत्या वर्सा आनिक 6 ते 7 हजार नोकऱ्यो उपलब्ध जातल्यो. सगळ्या वाठारांनी गोंयची उदरगत नेटान सूरू आसा. पर्वरी उड्डाण पुलाचे चवथी पयली उक्तावण जातले. नवो बोरी पूल लेगीत बेगीनूच पुराय जातलो. राना हक्क कायद्‍याखाला प्रलंबित आशिल्ले सगळे खटले येत्या 19 डिसेंबर मेरेन निकालात काडटले. एसटी समाजाक येत्या

वेचणुकेपयली आरक्षण मेळटले, अशेय मुखेलमंत्र्यांनी सांगले. येत्या ऑक्टोबर मेरेन खण वेवसाय सुरळीत जातलो, अशे ताणी सांगले. कार्यावळीत बरो वावर केल्या अधिकाऱ्यांचो भोवमान जालो.

CM- Patradevi

गोयाक पोर्तुगीज राजवटीतल्यान मुक्त करपाखातीर गोयच्या कितल्याश्याच सुटकेझुजाऱ्यांनी जीवाचे बलिदान दिले. गोय सरकारान सुटके झुजाऱ्यांच्या घरच्यांक मजत केल्या. त्यांचो सन्मान केला. पत्रादेवीच्या या ऐतिहासिक पुण्यस्मारक सुवातेर सुटके झुजाऱ्यांनी दिल्या बलिदानाची झलक पळोवपाक मेळटा. फुडाराक हे पुण्यस्मारक गोयातलें एक महत्त्वाचे ठिकाण थारतलें अशें मत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं उक्तायलें. पात्रदेवीत ऐतिहासिक पवित्र पुण्यस्मारकाच्या सुवातीचेर आयोजित केलेल्या स्वतंत्रताय दिस सुवाळ्यात ते उलयताले. पत्रादेवीच्या या हौतात्म्य स्मारकाच्या प्रकल्पाचे काम पुराय जाला. ऑगस्टाचे 25 तारखेर देशाचे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग यांच्या हस्तुकी या पुराय प्रकल्पाचे लोकार्पण जातले अशी माहिती मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं ह्या वेळार दिली.

**Drone didi scheme**

म्हायती तंत्रज्ञान, इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी संचारण खात्याच्या आदारान गोंय म्हायती तंत्रज्ञान विकास म्हामंडळान, आनी गरुड एरोस्पेस लिमिटेड कंपनीच्या जोडपालवान पर्वरीत, 12 बायलां खातीर पयली 5 दिसांची पायलट ड्रोन कौशल्य कार्यशाळा येसस्वीपणानपुराय केल्या. ह्या कार्यशाळे वेळार भाग घेवप्यांनी लायव्ह ड्रोन प्रदर्शनांतल्यान आपली वेव्हारीक उड्डाण कुशळटाय दाखयली.ह्या उपक्रमांतल्यान डिजिटल सशक्त गोंय उबारपाची आमची व्हड मोख आसा अशे गोंय म्हायती आनी तंत्रगिन्यान मंत्री रोहन कंवटे हांणी दिली.

Weather

गोय वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण गोयांत हलको ते मध्यम पावस पडू येता. आयज पंजेत चडत चढ तापमान३२ अंश सिल्चीउस नोंद जाला जाल्यार उण्यात उणे तापमान 26 अंश सिल्चीउस नोंद जाला.

Sports

limon football club सरकारी बहुउद्देशीय शाळा मैदान बोर्डाचेर खेळिल्ल्या फायनलींत लांबाडा बॉयज हांकां 4-3 अशी मात करून आगलीच्या सेंट अँथनी बॉयजांनी आयोजीत केल्ल्या 5 व्या ऑल गोवा 6 व्या फुटबॉल सर्तीचे वस्तादपण मेला